# वाहन चलयताना मोबायल वापरतल्याचेर कारवाय

ता. 30 जुलय 2018
8 आषाढ 1940

येरादारी पुलीस विभागावतीन 1 ऑगस्ट 2018 सावन वाहन चलयताना मोबायलाचेर उलोवपी वा वापर करपी वाहन चालकांआड खास मोहिम राबोवपात येतली. वाहन चलयताना मोबायलाचो वापर करप्याआड कारवाय करून दंड घालतले आनी वाहन चालकांचे वाहन चलोवपाचे परवानी जप्त करतले. वाहन चलयताना मोबायलाचेर उलवप हे एक अपघातांचे मुखेल कारण आसा. ते खातीर वाहन चालकांनी वाहन चलयताना मोबायलाचो वापर करचो न्हय आनी येरादारीचे नेम पाळचे.